Panaji Regional 1st June 2025 7.25am

मुखेलमंत्री

गावांनी वा शारांनी रस्त्याचेंर उदक साचुन उरत जाल्यार सरपंच, पंचांनी ह्या परीस्थितीची दखल घेवन उदकाचो विल्हो लावपाचे काम करुन घेवचे, तशेंच गरज पडल्यार भौशिक बांधकाम खात्याच्या मजतीन साचिल्ले उदक काडचे, उदक साचुन उरल्यार रस्तो पेड्यार जाता अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमाद सावंत हांणी म्हणला. ते स्वयंपुर्ण गोवा उपक्रमावरवी पावसाच्या फाटभुयेर आपत्ती वेवस्थापन आनी हैर तयारीवीशी आयोजीत केल्या कार्यावळींत video conferencing वरवीं उलयताले. मलेरिया, सारखी दुयेसा पावसान वाडटात, ताका लागुन पंचायतीनी , तशेचं नगरपालिकांनी हे विंशी आवश्यक ती उपाययेवजण करची, गाव , शार नितळ दवरचे अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. त्या भायर अमृत सरोवर येवजणेवरवी गोंयची सैमिक उदकाच्या स्त्रोतांचे पुर्नजीवन जावचे म्हण पंचायतीनी लक्ष दिवचे, बांयो, झरी, नितळ करच्यो, व्हाळातले गाळ पावसापयली काडुन उडोवचो अशे तांणी सांगले.

पावसान धबधबे, झरीचेरं काय जाण वताता आनी उपांरात तांच्या जीवार येता. ताका लागुन अशा सुवार्तीचेंर वचपांक पंचायतीनी , वा नगरपालिकांनी बंदी घालची, थंय बेरीकेडस घालचे, तशेचं प्रवेश बंदी आशिल्ली सुचना दिवपी तक्ते लावचे अशेंय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री सावंत हांणी केला.

सरकार बरे प्रसासन दिवपाक काम करता, मात गोंयचो happiness index वाडपाखातीर गोंयकारांनी लेगीत सरकाराक माजत करची आनी सुचोवण्यो दिवच्यो अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यानि गोंयकारांक केला.

-------------------------------------

डीजीटल म्युझियमाचे

फोंड्या फार्मागुदयेर छत्रपती शिवाजी म्हाराजाच्या डीजीटल म्युझियमाचे काम 2026 मेरेन पुराय जावन ताचे लोकार्पण जातले .ह्या प्रकल्पाकातीर केंद्र सरकाराच्या capital investment येवजणेवरवी १२५.५९ कोटी तले ९७.४६ कोटी रुपया पयल्या टप्प्यात मंजुर जाल्यात , जाल्यार हालीच जाल्लया मंत्रिमंडळाच्या बसकेत गोंय सराकारकडल्यान ह्या प्रकल्पाखातीर २८.१३ कोटी रुपया निधी

मंजुर जाल्याची  म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या. हो प्रकल्प २९ हजार  २१२ चौखण मीटर सुवातीत येतलो.
ह्या प्रकलपाचे काम दोन टप्यात जातले, अशे खंवटे हांणी सांगले.

------------------------------------

सुभाष शिरोडकर

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विकसीत भारत विकसीत शेती येवजण सुरू केल्या. ही येवजण 29 मे दिसा गोंयांत सुरू जाली.शेतकी तंत्रगिन्यानाची खूब उदरगत जाल्या आनी ही येवजण सामान्य शेतकारांक कळोवपाच्या हेतान सुरू केल्या. दुदाचे तंत्रगिन्यान आनी पद्दतींत खूब वाड जाल्या. हाका लागून दुदाच्या उत्पादनाक फायदो जातलो. अशे उलोवप सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर हानी केले.

------------------------------------

IPL

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जावपा आशिल्ल्या दुसऱ्या क्वालिफायरांत मुंबय इंडियन्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडा मदीं खेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरू जातली. ह्या खेळांत जैतिवंत जावपी पंगड मंगळारा त्याच सुवातेर आयपीएल फायनलींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू पंगडा आड खेळटलो. मुंबय इंडियन्सान आतां मेरेन पांच खिताब जिखल्यात जाल्यार पंजाबान एक फावट लेगीत खिताब जिखूंक ना.

------------------------------------